**गोंय राज्य पांवड्यावयल्या बँकर्स समितीची 121वी बसका जाली**

ता. 16 मे 2023

गोंय राज्य पांवड्यावयल्या बँकर्स समितीची 121वी बसका आयज पणजे ताज विवांतात जाली. स्टेट बँक ऑफ इंडियान बसकेचे आयोजन केल्ले. राज्यांतल्या बँकिंग क्षेत्राच्या कामगिरीचें मूल्यांकन करप आनी आर्थिक विकास वाडिखातीर फुडल्या धोरणांचेर चर्चा करप हो ह्या बसकेचो मुळावो उद्देश आशिल्लो.

बसकेक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुख्य सचिव डॉ. पुनीत कुमार गोयल, वित्त सचीव डॉ. व्ही. कांदेवेलू आनी बँकांचे प्रतिनिधी उपस्थित आशिल्लें.

बसकेत उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्यांत उद्देगीक क्षेत्राक चालना दिवपाखातीर मुख्यमंत्री सरल उद्देग सहाय्य येवजणेची रोखडीच अंमलबजावणी करपात येतली अशें सांगलें. विविध कार्यक्रमांचे आऊटसोर्सिंग करपा खातीर बँकाचे पॅनल स्थापन करपाचो सरकारचो विचार आशिल्ल्याचें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. तशेंच तांणी बँकांक प्रधानमंत्र्यांनी सुरू केल्ल्या बँकिंग संबंधित येवजणांक प्रोत्साहन दिवपाक सांगलें. हालीच्या काळांत बँकांनी केल्ल्या प्रगतीचीय मुख्यमंत्र्यान तोखणाय केली.

मुख्य सचिव डॉ. पुनीत कुमार गोयल हांणी बसकेत उलयताना बँकांच्या वेव्हारा संबंधीत आव्हानां, उपाय आनी हेर विशयांचेर मार्गदर्शन केले.

डॉ. व्ही. कांदेवेलू हांणी बँकांनी केल्ल्या प्रगतीचेर समाधान उक्तायले

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्यो प्रादेशिक संचालक श्रीमती स्मिता सी. कुमार हांणी बँकांनी स्वयं-विश्लेशण करपाची आनी रीण दिवपाच्या पद्धतीत सुदारणा करपाच्या गरजेचेर भर दिलो. बँकांनी कृशी क्षेत्रात गुंतवणूक वाडोवपाचेर भर दिवपाक सांगलें.

नाबार्डा चे उपमहावेवस्थापक श्री व्ही.व्ही. देशपांडे हांणी विविध येवजणांची म्हायती दिली.

एसबीआयचे उपमहावेवस्थापक श्री विकास बासुमातरी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/415

**2 16.05.**

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.